राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो  ३१.०३.२०२६ @ 6.३० pm

महावीर 130

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आणि उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन यांनी आज महावीर जयंतीनिमित्त देशवासियांक शुभेच्छा दिल्यो. एका सोशल मीडिया पोस्टात राष्ट्रपतीनी म्हणले की, भगवान महावीरांनी अहिंसा, सत्य आणि आत्मसंयमाची तत्त्वां शिकयली आणि लोकांक करुणेन भरिल्ली जीण जगपाची प्रेरणा दिली. प्रत्येकान भगवान महावीरांच्या शिकवणीतल्यान प्रेरणा घेऊन अधिक संवेदनशील, शांततापूर्ण आणि सर्वसमावेशक समाज घडोवपाक सतत प्रयत्न करपाक जाय . उपराष्ट्रपतीनी म्हणले की, भगवान महावीरांची कालातीत शिकवण सगळ्यांक आत्मशिस्त, करुणा आणि सलोख्याच्या जीवनाकडे मार्गदर्शन करता. भगवान महावीरांच्या आशीर्वादान समाजात शांतता, अहिंसा आणि बंधुत्वाची भावना घटट जाता.

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी भगवान महावीर जयंती निमित्तान शुभेच्छा दिल्यात. सोशल मीडियार एका पोस्टात तांणी म्हणला की, भगवान महावीर हांची जीण आणि शिकवण सत्य, अहिंसा आणि करुणेचो मार्ग आजुय प्रकाशित करता. भगवान महावीरांचे आदर्श आध्यात्मिकदृष्ट्या उन्नत करपी . असून ते आजच्या जगातय अत्यंत समर्पक आसात अशे तांणी म्हळे.

मज गती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीनी आज महावीर जयंतीनिमित्त गांधीनगरातल्या कोबा हांगा सम्राट संप्रती संग्रहालयाचे उक्तावण केले. हे संग्रहालय जैन इतिहास आणि सम्राट संप्रती हांची जीण, त्यांचे शासन आणि अहिंसेच्या संदेशाक समर्पित आसा. या वेळार एका जाहीर सभेत उलयताना प्रधानमंत्र्यान म्हणले, की कोबा तीर्थक्षेत्रात मूल्यांचे जतन करतात, सांस्कृतिक दायज घटट करतात आणि ज्ञानाचे संवर्धन करतात.

त्यांनी हाका अभ्यास, आध्यात्मिक साधना आणि आत्मशिस्त या तीन प्रवाहांचो संगम म्हणले. हीच भारतीय संस्कृतीची बुन्याद आसा अशे प्रधान मंत्रयानी अधोरेखित केले आनी हो पवित्र संगम सुरळीतपणान प्रवाहित उरतलो याची खात्री करप हे प्रत्येकाचे सामूहिक कर्तव्य आसा अशे म्हळे. जगात सध्याच्या परिस्थितीचो संदर्भ दिवन मोदी नी म्हणाले की, या संग्रहालयाचो संदेश पुराय मानवते खातीर महत्त्वाचो आसा.

आपल्या सरकारान केल्या धा संकलपा विशी उल्यताना तानी म्हळे

सचीव 70

सरकारान आयज वेगवेगळ्या मंत्रालयांनी आनी खात्यांनी नव्या सचीवांची नेमणूक केल्या. बिहार कॅडरांतले 1992 बॅचिचे आयएएस अधिकारी चंचल कुमार हांची म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयांत सचीव म्हणून नेमणूक जाल्या. म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयांतले सध्याचे सचीव संजय जाजूची ईशान्य प्रदेशाच्या उदरगत मंत्रालयांत सचीव म्हणून नेमणूक जाल्या. भुवनेश कुमाराक पर्यटन मंत्रालयांत सचीव म्हणून नेमल्या, जाल्यार श्रीवत्स कृष्णा हांका अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्रालयांत सचीव म्हणून नेमणूक केल्या. ग्रामीण उदरगत खात्यांत रोहित कंसाळ हांका सचीव म्हणून नेमल्या.

चित्रपट 25

सात दिसांचो आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव दिल्ली २०२६ आज नवी दिल्लीत भारत मंडपम हांगा सोपलो. सप्तकभर चलिल्या या महोत्सवात जगभरातले १२५ परस अधिक चित्रपट प्रदर्शित केले,

पेईस40

आदलो टेनिसपटू लिएंडर पेईस हानी नवी दिल्लीत पक्षाच्या मुख्यालयात केंद्रीय मंत्री किरेन रिजिजू आणि सुखांत मजुमदार हांचे सयत पक्षाच्या वरिष्ठ फुडाऱ्यांच्या

उपस्थितीत भारतीय जनता पक्षात (भाजप) प्रवेश केलो. पेस हांचे पक्षात स्वागत करताना, रिजिजू यांनी तांचो भाजपमधलो प्रवेश इतिहासिक असल्याचे म्हणले.

स्पोर्ट्स 30

१६ वी 'हॉकी इंडिया सब-ज्युनियर बायला राष्ट्रीय अजिंक्यपद सर्त फाल्यां झारखंडांतल्या रांची शारांत सुरू जातली आनी ती 12 एप्रील मेरेन चालू आसतली. ‘अ’ विभागांत १२ पंगड आसतात, जे चार गटांनी विभागल्यात;

वेदर 50

भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, केरळ, माहे, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, सिक्किम आनी उपहिमालयन अस्तंत बंगाल हांगा पावस पडपाचो अदमास काडला. तशेंच फाल्यां मेरेन चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, कर्नाटक, कोंकण आनी गोंय, मध्य प्रदेश, पंजाब, तेलंगणा, उत्तर प्रदेश आनी ईशान्य राज्यांनी  अशीच हवामानाची परिस्थिती चालूच उरपाची शक्यताय आसा.